**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ओणम सणाची परबीं**

ता. 4 सप्टेंबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या समस्त लोकांक आनी खास करून संवसारभरांतल्या केरळीयन समाज बांधवांक ओणम सणाची उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ओणम सण समृध्दी, सलोखो आनी सांस्कृतीक वारसो आनी परंपरांचो एक व्हड आनी खुब म्हत्वाचो उत्सव आसा. हो सण राजा महाबलीच्या राजवटीच्या उगडासाक मनयतात, जांची राजवट समानताय, न्याय आनी भरभराटीची मानतात. ओणम उत्सवात एकजूट, मोग आनी अंतर्भाव दिसून येता, जो सदाकाळ आनी विश्वव्यापी आसा. पुक्कलम ते ओणासाद्या परंपरांचो आस्पाव आशिल्लो ओणम सण खुशालकाय, एकजूट आनी कृतज्ञतायेचे प्रतिक जावन आसा. हो सण खरी खुशालकाय सलोखो आनी समृध्दीची दिवप घेवप करपाच्या भावनेत आसा, हाचोय उगडास करून दिता. ह्या ओणम सणाच्या प्रसंगार ही मुल्यां सांबाळून दवरपाक आनी भावपणाचे बंधन मजबूत करपाक आमकां प्रेरणा मेळू. ओणम सणाची उर्बेभरीत परबीं, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/723

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.